रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आणि बिहारचे उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हांणीआज बिहाराक तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाड्यांसयत सात गाडयो समर्पित केल्या. रेल्वे मंत्री वैष्णव नवी दिल्लीसावन व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंगा वरवी या कार्यक्रमात वांटेकार जाले, तर उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हाणी पाटणा जंक्शन वेल्यान गाड्यांक पाचवो बावटो दाखयलो. तीन नवीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयो सुरू जाल्यान, राज्याची कनेक्टिव्हिटी आनीक सुधारतली, जी विकसित बिहारा वरवी विकसित भारताचे स्वप्न साकार करपाच्या दिशेन एक महत्त्वाचे पावल आसा अशे वैष्णव हाणी सांगले मोदीनी हांगा जावपी विकास प्रकलपांक कशे मुखार व्हेले तेविशीय वैष्णव उलयले

विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी सांगले की, जम्मू आणि काश्मीरातल्या किश्तवाड जिल्ह्याची पंतप्रधान धन धान्य कृषी योजने अंतर्गत आकांक्षी कृषी जिल्हो म्हणून निवड केल्या. सोशल मीडिया पोस्टत डॉ. सिंह हाणी म्हणले की, हाका लागुन शेतीक चालना मेळटली आणि या दुर्गम भागातल्या कृषी उद्योजकांक प्रोत्साहन मेळटले. सरकारान २०२५-२६ च्या केंद्रीय अर्थसंकल्पात स वर्सा खातीर १०० आकांक्षी कृषी जिल्हे विकसित करपाची घोषणा केल्ली

आज जागतिक हृदय दिस दर वर्सा २९ सप्टेंबरक हृदयरोग, त्यांचे प्रतिबंध आणि त्यांचे जागतिक परिणाम याबद्दल जनजागृती कर पाक हो दिस मनयतात. केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हाणी म्हणला की, जागतिक हृदय दिस हृदयरोग भलायकेचे महत्त्व अधोरेखित करता आणि हृदयाकडे संबंधित दुयेंसा रोखपाक सक्रिय उपाय योजनांक उर्बा दिता. स्वस्थ नारी सशक्त नारी अभियानान फाव तो परिणाम दिला आनी ही मोहीम गांधी जयंती मेरेन चलतली अशे केंद्रीय मंत्री जे पी नड्डा हांणी सांगला पी एम गती शक्ती सारकेले उपक्रम सरकारी प्रतिक्रिया ते येरादारी जोडणी मरेन भारताच्या वाडीची मोख प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या कार्यकाळात कशी वादळी ताचे विशी आमच्या खबरा विभागाचो हो आसा खासा रिपोर्ट

भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात, कोंकण, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्रात आयज घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान हवामान खात्यान orange अलर्ट जारी केला . तशेंच फुडले 2 ते 3 दिसा अंदमान आनी निकोबार जुंवे, छत्तीसगड, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा ह्या वाठारांनी हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.

नेमबाजीत भारताच्या अनुष्का थोकूरान काल दिल्लीत डॉ. करणी सिंग रेंज हांगा जाल्या ISSF ज्युनियर वर्ल्ड कपात बायलांच्या ५० मीटर रायफल ३-पोझिशन स्पर्धेत भांगरापदक जिंकले.